28th August 2025 6.30pm

PM Japan – 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पंदराव्या भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर आयज सांजवेळा जपान भोंवडेर वतात. प्रधानमंत्री मोदी हांची ही आठवी जपान भेट आसतली, आनी तांचे समकक्ष शिगेरू इशिबा बरोबर पयली शिखर परिशद आसतली. हे भेटी वेळार संरक्षण आनी सुरक्षा, वेपार आनी अर्थवेवस्था, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण, सयत भारत आनी जपान हांचे मदल्या खाशेल्या धोरणात्मक आनी जागतीक भागीदारीचो नियाळ दोनूय फुडारी घेतले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

तांच्या भेटीच्या दुसऱ्या पावडयांत चीनाचे राष्ट्राध्यक्ष शी जिनपिंग हांच्या आमंत्रणाचेर तियानजिनांत जावपी शांघाय सहकार संघटणेच्या शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर प्रधानमंत्री मोदी 31 ऑगस्ट ते 1 सप्टेंबर मेरेन चीन भेटेर वतले.

PMJDY – 160

प्रधानमंत्री जनधन येवजनेक आज ११ वर्सां पुराय जातात. ही जगातली सगळ्यांत मोठ्या आर्थिक समावेशन उपक्रमांपैकी एक आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 15 ऑगस्ट 2014 दिसा लाल किल्ल्याच्या प्राचीरांतल्यान ह्या उपक्रमाची घोषणा केली.

ह्या निमतान केंद्रीय अर्थ आनी कॉर्पोरेट वेव्हार मंत्री निर्मला सीतारमण हांणी आपल्या संदेशांत म्हळां PMJDY प्रत्यक्ष लाभ हस्तांतरण (डीबीटी) चो उपेग करून वेग वेगळ्या येवजना अंतर्गत लाभ प्रदान करपाक, रिण सुविधा, सामाजिक सुरक्षा प्रदान करपाक आनी बचत आनी गुंतवणूक वाडोवपाखातीर प्रमुख माध्यमा पैकी एक आसा.

फाटल्या 11 वर्सांत 56 कोटी मायज जनधन खातीं उक्तीं जाल्यांत, तातूंत वट्ट 2.68 लाख कोटी रुपया जमा जाल्यात अशें सीतारामन हांणी सांगलें. 38 कोटी वयर फुकट रुपे कार्ड जारी केल्यात, जाका लागून डिजिटल वेव्हाराक चालना मेळ्ळ्या अशे तांणी मुखार म्हळें.

प्रधानमंत्री जन धन येवजणे खाला 67 टक्के खातीं गांवगिऱ्या वा अर्द शारी वाठारांनी उक्तीं जाल्यांत, आनी 56 टक्के खातीं बायलांनि उक्तीं केल्यांत, हाचे वयल्यान देशांतल्या दुर्गम वाठारांनी रावपी वंचित लोकांक औपचारीक अर्थीक क्षेत्रांत कशे हाडल्यात हें दिसून येता अशें केंद्रीय अर्थमंत्र्यांनी सांगलें.

UIDAI-SCHOOLS BIOMETRIC - 50

भारतीय विशिष्ट वळख प्राधिकरण - UIDAI न देशभरातल्या शाळांक 5 ते 15 वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर वेळार आधार अनिवार्य बायोमेट्रिक अपडेट सुनिश्चीत करपाक सांगलां. प्राधिकरणाचे कार्यकारी अधिकारी भुवनेश कुमार हांणी हे संबंदी सगल्या राज्यांच्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या मुखेल सचीवांक पत्र बरयला आनी ताचे संबंदीत शिबिरां घडोवन हाडपाक सहकार्याची विनंती केल्या.

IMD –70

हवामान खात्यान आयज तेलंगणा आनी कर्नाटकांच्या दर्यादेगेवेल्या वाटारखातीर दाट उटनगराचो रेड अलर्ट जारी केल्या. उत्तराखंड, कर्नाटक आनी महाराष्ट्रांतय अशीच परिस्थिती आसतली अशें खात्यान सांगलां. फुडले 2 ते 3 दीस केरळ आनी दक्षिण द्वीपकल्पांत मुसळधार पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.हवामान खात्याचे वरिश्ठ शास्त्रज्ञ डॉ आर के जेनमनी हांणी आकाशवाणीक दिल्ले खाशेले मुलाखतींत जम्मू-काश्मीर आनी हिमाचल प्रदेशांत पावस उणो जाला अशें सांगलें. हाका लागून हुंवार पिडित राज्यांक दिलासो मेळूं येता अशें तांणी सांगलें.

ASEAN – 50

परराष्ट्र मंत्रालयान इंडिया फाउंडेशन आणि आसियान फाउंडेशनच्या जोड पालवान आणि गोय राज्य सरकारच्या सहकार्यान आसियान-भारत युवा शिखर परिषदेची 5 वी आवृत्ती 28-31 ऑगस्ट मजगती आयोजित केल्या. केंद्रीय परराष्ट्र व्यवहार आणि वस्त्रोद्योग राज्यमंत्री पवित्रा मार्गेरिटा हाणी आज युवा शिखर परिषदेच्या उद्घाटन कार्यावळीत उलोवप केले.

Chess –25

भारतीय ग्रॅण्डमास्टर आर प्रज्ञानंदान ग्रॅण्ड चेस टूर फायनलींत सुवात मेळयल्या. सिंकफील्ड कपांत उपविजेतो जावन प्रज्ञानंदान आपली सुवात निश्चित केल्या, अमेरिकेचो वेस्ली सो हाणें हे सर्तीचें खिताब जिखलें.